# मुख्यमंत्री 17 सप्टेंबराक मुळाव्या शाळांचे शिक्षक, पालक आनी अधिकाऱ्यांवांगडा संवाद साधतले

ता. 8 सप्टेंबर 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मुळाव्या पांवड्याचेर मुल्यवर्धन ह्या मुल्यवर्धीत शिक्षण कार्यक्रमाच्या अंमलबजावणीचेर समाधान व्यक्त करून मुठ्ठा **फाउंडेशनान** 453 विद्यार्थ्यांच्या **प्रगतीविशी सादर केल्ल्या निकालाचेर खोस उक्तायली आनी** सरकारी शाळांतल्या विद्यार्थ्यांची सर्जनशीलता तोखणाय करपा सारखी आशिल्ल्याचे म्हणलें.

मुख्यमंत्री आयज 17 सप्टेंबर 2022 दिसा शिक्षक, पालक, पीटीए सदस्य, सरपंच आनी पंच सदस्यां वांगडा जावपी दोन वरांच्या व्हर्च्युअल संवाद कार्यक्रमाचेर चर्चा करपाखातीर आयोजीत बसकेत उलयताले. ह्या संवाद कार्यक्रमातल्यान राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरणाची अंमलबजावणी, शाळांचे विलीनीकरण, मूलवर्धन शिक्षण संकल्पना आनी मध्यान्ह आहार कार्यक्रम आनी हेर संबंधीत विशयांचेर चर्चा जातली.

**ह्या कार्यक्रमात** सगळ्यां मुळाव्या सरकारी आनी **शासकीय अनुदानीत शाळा सहभागी जातल्यो**. गोंयातल्या शिक्षण क्षेत्राक चालना दिवपाखातीर सरकारान सुरू केल्ल्या साबार उपक्रमांचेर चर्चा जावन ते समजून घेवपाक ह्या कार्यक्रमाची मदत जातली तशेंच मुल्यवर्धीत शिक्षण धोरणाची पालक आनी हेरांक म्हायती समजून घेवपाक मेळचली.

शाळांच्या विलीनीकरणाबाबतीत उलयताना मुख्यमंत्र्यान सरकार खंयचीच शाळा बंद करचे ना अशें सांगलें. सरकारी शाळांनी दर्जेदार शिक्षण दिवपाखातीर सरकार पावलां उबारतले, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

निपुण भारत मिशनचोय ह्या दिसा शुभारंभ करपात येतलो, अशीय म्हायती तांणी बसकेत दिली.

बसकेक शिक्षण संचालक **श्री शैलेश झिंगडे** , एडीआय आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/511

--

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji